## विठ्ठलापूर-सांखळे 26 नोव्हेंबराक त्रिपुरारी पुनवेचो उत्सव

ता. 21 नोव्हेंबर 2023

कला आनी संस्कृती संचालनालय,  पर्यटन खाते, पर्यटन विकास म्हामंडळ, म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते, दिपावली उत्सव समिती आनी श्री विठ्ठल देवस्थान समिती हांच्या सहकार्यान 26 नोव्हेंबर 2023 दिसा विठ्ठलापूर सांखळी हांगा त्रिपुरारी पुनव उत्सव मनोवपात येतलो.

कला आनी  संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी राज्य पांवड्या वयल्या उत्सव समितीच्या बसकेत कार्यक्रमाची म्हायती दिली.  बसकेक मयेचे आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट, पर्येच्यो आमदार सौ. देविया राणे आनी  संबंदीत खात्यांचे अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.  कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. सगुण वेळीप हांणी बसकेक उपस्थित आशिल्ल्यांक येवकार दिलो.

त्रिपुरारी पुनवेच्या उत्सवानिमतान वाळवंटी न्हंयच्या पात्रात जावपी नौकाविहार सर्त ही उत्सवाचे खाशेले आकर्शण आसा आनी गोंयासयत शेजारच्या  राज्यांतल्यान हजारांनी  भाविक ही सर्त पळोवपाक येतात. हो उत्सव यशस्वी करपा खातीर सगळीं संबंदीत यंत्रणा सज्ज आशिल्ल्याचे मंत्र्यान सांगलें.

नौकाविहार सर्तीत पर्यावरणपूरक नौकांचो सहभाग आसता.  थर्माकॉल पासून तयार केल्ल्या नौकांचो सर्तीखातीर विचार जावचो ना.

सांजेच्या 7.00 वरांचेर भगवान श्रीकृष्ण मिरवणूक, उपरांत वाळवंटी न्हंयच्या पात्रात दीपदानाचो कार्यक्रम जातलो. 7.30 वरांचेर श्री पांडुरंग देवस्थानच्या प्रांगणात सांस्कृतिक कार्यक्रम, रातच्या 10.30 वरांचेर  श्री विठ्ठल-रखुमाईची पालखी मिरवणूक आनी 11.00 वरांचेर  त्रिपुरासुर वध केल्या उपरांत फोग लावपाचो कार्यक्रम जातलो. नौकाविहार सर्तीत वाटो घेवपा खातीर इत्सुकांनी थळाव्या दीपावली उत्सव समितीकडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/895

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.